# मतदार वळेरी विशेश उजळणी कार्यक्रम

ता. 29 ऑक्टोबर 2024

केंद्रीय वेंचणूक आयोगाच्या कार्यक्रमा प्रमाण 1 जानेवारी 2025 ही पात्र तारीख धरून गोंय राज्यांतल्या लोकसभा आनी विधानसभा मतदारसंघा संबंदीत मतदार वळेरी प्रसिध्द करपात येतली, अशें राज्य मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान कळीत केला. त्या खातीर मतदार वळेरी विशेश उजळणी मोहिम निश्चित केल्या. विशेश मतदार वळेरी उजळणी कार्यक्रमा प्रमाण एकत्रीत मतदार वळेरी 29 ऑक्टोबर 2024 दिसा प्रसिध्द करपात आयल्या. मतदार वळेरी विशीं कसलीय कागाळ वा आक्षेप आसल्यार ते ता. 29 ऑक्टोबर 2024 ते 28 नोव्हेंबर 2024 मेरेन स्विकारतले. राज्यांत ता. 9, 10, 23 आनी 24 नोव्हेंबर 2024 दिसा विशेश मोहिम जातली. दावे वा आक्षेप आसल्यार ते 24 डिसेंबर 2024 मेरेन निकालात काडटले आनी 6 जानेवारी 2025 दिसा अंतिम मतदार वळेरी प्रसिध्द जातली.

मतदार आनी राजकीय पक्षांक मतदार वळेरी तपासपा खातीर 29 ऑक्टोबर 2024 ते 28 नोव्हेंबर 2024 मेरेन संबंदीत मतदान केंद्र, संबंदीत निर्वाचन अधिकारी आनी उपजिल्हाधिकाऱ्याच्या

कचेरीत उपलब्ध आसतली. मतदारांनी वळेरीतल्या आपल्या नावाची तपासणी करची आनी कसलीय दुरूस्ती करपाची आसल्यार तसो अर्ज भरून दुरूस्ती करून घेवची.

तशेंच 1 जानेवारी 2025 ही पात्र तारीख धरून पिरायेची 18 वर्सां पुर्ण करप्यांनी संबंदीत अर्ज भरून आपले नाव मतदार वळेरीत घालून घेवचे.

वेंचणूक आयोगाच्या मतदार हेल्पलायन मोबायल अँप आनी https://voters.eci.gov.in/ , ह्या पोर्टलाचेरय ऑनलायन ई-सेवा उपलब्ध आसा. तशेंच मुखेल निर्वाचन अधिकारी, गोंय हांचेकडेन www.ceogoa.nic.in ह्या वेबसायटी वयल्या अर्ज करपाक शकतात.

**म्हा /सप/ / विगां/ 2024/590**

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.